8TH April 2026 7.25am

इनडोर स्टेडियमाची तपासणी -

फोंडा विधानसभा मतदारसंघांत जावपी पोटवेंचणुकेचे फाटभुंयेर, दक्षिण गोंयचे जिल्लो वेंचणूक अधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी नोडल अधिकाऱ्यां सयत नावेलींतल्या 'मनोहर पर्रीकार इनडोर स्टेडियम'ची सविस्तर तपासणी केली. वेंचणुके संबंदीत कामा खातीर तयार केल्ल्या सुविधांचो नियाळ, हया पंगडान घेतलो. तातूंत 'स्ट्रॉंग रूम', नियंत्रण कक्ष आनी काउंटिंग रूम हांचो आस्पाव आसा, अशी म्हायती क्लिटस हाणी दिली. तपासणे वेळार सगळ्या सुवातींनी सुरक्षेची योग्य वेवस्था सुनिश्चीत करपा खातीर सुचोवण्यो दिल्ल्यो. तशेंच सुरक्षा मळार खंयच्याय प्रकारची  चूक जाल्यार 'शून्य सहिष्णुताय' (zero tolerance) दाखयतले, अशें ताणी स्पष्ट केलें. मुक्त आनी पारदर्शक रीतीन वेंचणूक जावची, हे खातीर सगल्या संबंदीत अधिकाऱ्यांक उंचेल्या पांवड्यावेली जागृताय दवरप, समन्वय दवरप आनी भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या मार्गदर्शक तत्वांक, खरपणान पाळो दिवपाचे निर्देश दिल्यात, अशे ताणी सांगले. मजगतीं, फोंडा पोटवेंचणुकेची सगळी वेवस्था पुराय जाल्या. वट्ट 45 मतदान केंद्रां आसात, थंय 200 परस चड मतदान कर्मचारी नेमल्यात. सगली मतदान केंद्रां तयार आसात. पिवपाचें उदक आनी वेटिंग रुम हांची खाशेली वेवस्था केल्या. गरज पडल्यार मतदारांक बसपाची सुविधाय उपलब्ध करून दिल्या. वाहनाची गरज आशिल्ल्या ज्येश्ठ नागरिकांक, ई-रिक्शाची वेवस्था केल्या. वेंचणूक आयोगाच्या सुचोवण्यां प्रमाण दरेका मतदान केंद्राचेर, 'मोबायल डिपॉझिट'ची सुविधाय आसा. 'स्ट्रॉंग रूम' आनी काउंटिंग सेंटराची तपासणी निरिक्षकान केल्या, आनी नावेली हांगाच्या स्ट्रॉंग रूमांतय पुलीस सुरक्षा, तैनात केल्या, अशी म्हायती एग्ना क्लिटस हाणी दिली.

Rashmi -

संवसारीक भलायकी दिसाच्या फांटभुयेर काल, गोंयचे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सशक्त, बळिश्ट आनी घटमुट समाज उबारपाखातीर, गोंय सरकार कटीबद्ध आसा, अशे म्हणला. गोंयांत भलायकी सेवा हि फकत सेवा न्हय - तर ती एक जापसालदारकी आसा, अशे म्हणटना, नवनिर्माणान आनी अखंड समर्पणान  गोंयचो भलायकी मळ आमी घटमुट केला, अशे तांणी म्हळा.

निरोगी नागरिक हे विकसित भारताची बुन्याद असा, अशेय मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हळा.

सुभाष

बायोटा, म्हळयार राज्य जीवशास्त्र शिक्षक संघटणेंन, गोवा सायन्स सेंटर (पणजी) आनी ‘अरण्य पर्यावरण संशोधन संघटना’ हांच्या सहकार्यान सोळावी राज्य पांवड्यावेली आंतर उच्च माध्यमिक पर्यावरण प्रस्नमाची सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त शेनवारा, 18 एप्रिलाक सकाळीं पणजी-मीरामार हांगाच्या गोंय विज्ञान केंद्र आनी ग्रहालयाच्या मुखेल सभाघरांत जातली. अंदूच्या सर्तीचो मुखेल विशय ‘गोंयची जैवविविधताय आनी पर्यावरण यंत्रणा’, हातूंत मुखेलपणान गिरेस्त रानसंपत्ती, आनी पर्यावरणाचे म्हत्व, हांचेर भर दितले. 15 एप्रिल मेरेन नोंदणी करून राज्यांतल्या सगळ्या उच्च माध्यमीक शाळांनी, हे सर्तींत वांटो घेवचो, अशे आवाहन बायोटा संघटनेचे अध्यक्ष सागर कृष्ण परवार हांणी केला.

महेश

कॉमन वेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशन (CPA) इंडिया रीजन झोन - 7 ची परिषद गोयात, 8 ते 10 एप्रिल, मजगती जावपाची आसा. ते विशीचे मीडिया सल्लागार, पत्र सूचना कार्यालय आणि प्रसारण मंत्रालय भारत सरकार, प्रेस माहिती ब्युरो, माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान जारी केल्या. ह्या कार्यावळीक लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, राज्यसभा उपसभापती हरिवंश सिंह, ८ एप्रिलाक दनपारा देडाक दाबोली आंतरराष्ट्रीय विमानतळार पावतले, अशे पी.आय.बीचे संचालक नाना मेश्राम हाणी सांगला. आंध्र प्रदेश, छत्तीसगढ, हरियाणा, कर्नाटक, राजस्थान आनी तेलंगणाच्या राज्य विधीमंडळांचे अधिकारी सोडल्यार तशेच गोंयचे संसद वांगडी ह्या परिषदेत वाटेकर जातले. ह्या परिषदेत विकसित भारतात तरणाट्यांची भूमिका ह्या विषयावर चर्चा जातली. संसदीय सहकार्य घटमूट करप आनी प्राधान्याचा मुद्दयांचेर ह्यावेळार चर्चा जातली.

DIP

पेट्रोलियम आणि नैसर्गिक वायू मंत्रालयान जाहीर केला की, २ ते ३ मार्च मजगती, स्थलांतरित मजुरांक जाव्पी सिलेंडरच्या सरासरी दिसपटटया पुरवठ्याच्या आधारार, प्रत्येक राज्यात स्थलांतरित मजुरांक वितरणाखातीर उपलब्ध अशील्या ५ किलो एफ.टी.एल सिलेंडरची, दैनंदिन मात्रा आदीच्या २०% च्या मर्यादे पलतडी दुप्पट केल्या. हे ५ किलो एफ.टी.एल सिलेंडर तेल कंपन्यांच्या मदतीन, फक्त राज्यातल्या स्थलांतरित मजुरांक वितरीत करपाक राज्य सरकार वा अन्न/नागरी पुरवण विभागाकडे आसतले.

DIP

९ एप्रीलाक जावपी पोटवेंचणूकें खातीर, सरकारान फोंडें विधानसभा मतदारसंघातले मतदार आशिल्ले उद्देगीक कामगांर, सरकारी खातीं आनी उद्देगांनी दिसवड्याचेर आनी नैमित्तीक काम करपी आनी हेर खाजगी आस्थापनांनी काम करपी सगळें कामगार/कर्मचाऱ्यांखातीर, मतदानाच्या दिसा भरपगारी सुटी जाहीर केल्या.

स्पोर्ट्स -

गोय विद्यापिठाच्या आंतर म्हाविध्यालयीन दादल्या क्रिकेट सर्तीत, पणजीच्या डॉन बोस्को महाविद्यालयान, गोय वैजकिय महाविद्यालयाक हारावन जैत जोडले.

वेदर -

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 33.4 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 22.5 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार